# मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं स्वयंपूर्ण युवा कार्यक्रमाचो शुभारंभ

*तरणाट्यांक नोकरीच्या संदींची जाणीव करून दिवपाखातीर उपक्रम*

ता. 27 ऑक्टोबर 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या तरणाट्यांक फार्मास्युटिकल्स, जहाज बांदणी आनी हेर उद्देगांनी रोजगाराच्यो भरपूर संदी उपलब्ध आशिल्ल्याचे सांगून गोंयांत भारतातलो पयलो मरिटाईम क्लस्टर सुरू जाल्ल्याचे सांगलें.

मुख्यमंत्री आयज डीएम कॉलेज कॉम्प्लेक्स, म्हापसा हांगा कामगार आनी रोजगार आयुक्त कार्यालयाच्या मॉडेल करिअर सेंटरावतीन आयोजीत कार्यक्रमात स्वयंपूर्ण युवा कार्यक्रमाचे उक्तावण केल्या उपरांत उलयतालें. गोंयांत उपलब्ध आशिल्ल्या रोजगार संदीविशीं गोंयच्या तरणाट्यांमदी जागृताय करप हो ह्या उपक्रमाचो उद्देश आशिल्ल्याचे मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

गोंयांतल्या तांत्रिकी संस्थांमदी विद्यार्थ्यांच्या नावनोंदणीक प्रोत्साहन दिवपाखातीर हालीच अंमलबजावणी केल्ल्या "डायमंड ज्युबिली फॉर टेक्निकल एज्युकेशन (डीजे-गिफ्ट स्कीम) ह्या येवजणेची म्हायती दितना मुख्यमंत्र्यान ह्या स्वयंपूर्ण युवा कार्यक्रमा वरवीं बेकार तरणाट्यांक रोजगाराच्यो संदी उपलब्ध करून दिवपाक मजत जातली तशेंच उद्देजकांकय कुशळ मनीसबळ मेळटले, अशें सांगलें.

आयच्या ह्या स्वयंपूर्ण युवा रोजगार मेळाव्याक ६० परस चड कंपन्याची उपस्थिती आशिल्ल्याचे सांगून डॉ. सावंत हांणी तरणाट्यांक ह्या मेळाव्याचो पुरेपूर लाव घेवपाचो उलो मारलो. तशेंच दिसभर चलपी ह्या कार्यक्रमात तरणाट्यांक २५ खात्यांच्या अधिकाऱ्यांकडेन संवाद सादून वेगळयां वेगळयां येवजणांची म्हायती जाणून घेवपाक मेळटलें.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान म्हणले, गोंय सरकार आयटी स्टार्ट-अप धोरण आनी हेर स्टार्ट-अप्साक दहा लाखांमेरेन सबसीडी दिता. गोंयांत स्किल युनिव्हर्सिटी, डिझाईनिंग युनिव्हर्सिटी सारखी खाजगी विद्यापीठा सुरू करपा वांगडाच गोंयांत वेगवेगळयों कोचिंग क्लासीस सुरू करपा खातीर विधेयक मंजूर केल्ल्याचेय सांगलें.
राज्यांत राष्ट्रीय फॉरेन्सिक विज्ञान विद्यापीठाच्या कामाक सुरवात जाल्ल्याचेय तांणी सांगलें.

महसूल, म्हायती तंत्रज्ञान आनी कामगार मंत्री श्रीमती जेनिफर मोन्सेरात हांणी हो पयलो स्वयंपूर्ण युवा रोजगार मेळावो आशिल्ल्याचे सांगून हो उपक्रम स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रम यशस्वी जावपाक उपेगी थारतलो, अशें सांगलें. तरणाट्यांक आत्मनिर्भर आनी सक्षम करपा खातीर सरकार सातत्यान प्रयत्न करता, अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या वेळार उपस्थितांमदी आमदार श्री. जोशुआ डिसोझा, श्री. ग्लेन टिकलो डीएम कॉलेजीचे अध्यक्ष श्रीकृष्ण टी. पोकळे, कामगार आनी रोजगार आयुक्त श्री राजू गावस हांचो आस्पाव आशिल्लो.

श्री. राजू गावस हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/893

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji